# ऑनलायन पोर्तुगीज भाशांतर सेवेचो शुभारंभ

ता. 26 सप्टेंबर 2023

पुराभिलेखसंग्रह खात्याचे मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी आयज पर्वरे सचिवालयांत आयोजीत कार्यक्रमात ऑनलायन पोर्तुगीज भाशांतर सेवेचो शुभारंभ केलो. ह्या कार्यक्रमात तीन नामनेच्या शिक्षणीक संस्थां वांगडा समजीकाय कबलात जाली, तशेंच दोन संशोधनाभिमुख येवजणांचीय घोशणा जाली.

पुराभिलेख खाते आनी शिक्षणीक संस्थांमदी सहकार्य वाडोवपा खातीर विद्या प्रबोधिनी म्हाविद्यालय, पर्वरी, संत सोहिरोबानाथ आंबिये सरकारी म्हाविद्यालय, पेडणे आनी पीईएस च्या रवी नाईक म्हाविद्यालय, फोंडा हांचे वांगडा समजीकाय कबलात जाली.

मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हांणी गोंयचो समृद्ध वारसो आनी इतिहासाचे संवर्धन करपाच्या उद्देशान दोन संशोधनाभिमुख येवजणांचो शुभारंभ केलो. पयली येवजण "मुख्यमंत्री पुराभिलेख प्रकाशन योजना," – पुराभिलेख खात्यातल्या पुराभिलेख नोंदी आनी अनुवादांचेर आदारीत पुस्तकांच्या प्रकाशना खातीर आर्थिक सहाय्य दिवप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. ह्या पुस्तकांनी इतिहास, समाजशास्त्र, मानववंशशास्त्र, राजकारण, शासन आनी प्रशासन अशा विविद विशयांचो आस्पाव आसतलो. दुसरी येवजण "डॉ. पांडुरंग शेणवी पिसुर्लेकर रिसर्च फेलोशीप योजना," – पुराभिलेख खात्यातल्या पुराभिलेख नोंदीचेर आदारीत संशोधन प्रकल्प हातात घेवपाक संशोधन विद्वानांक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. हे येवजणेखाला ज्युनियर पांवड्यार एक आनी सिनियर पांवड्यार एक अशो दोन फेलोशीप दर वर्सा दितले.

मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हांणी गोंयचो समृद्ध इतिहास आनी वारसो सांबाळून दवरपाची गरज व्यक्त करून त्या खातीर अशें उपक्रम म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगलें. लोकांक आनी खास करून फुडल्या पिळगेक गोंयच्या इतिहासाची जाणीव जावपा खातीर पुराभिलेखसंग्रह म्हत्वाचो आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें. ऑनलायन पोर्तुगीज भाशांतर सेवेक लागून लोकांक वेळार आनी विश्वसनीय भाशांतर मेळपाक मदत जातली. 15 अनुवादकांचे पॅनल तयार केल्ले आसून एका पानाक 350/- रुपया हे प्रमाण लोक आपल्या दाखल्यांचो अनुवाद करून घेवपाक शकतात, अशें तांणी सांगलें.

चित्रपट, पुस्तकां, फोटोग्राफी, पुराभिलेख डिजिटायजेशन अशा माध्यमांतल्यान गोंयचो इतिहास आनी वारसो सांबाळून दवरपा खातीर सरकारचे प्रयत्न आशिल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

शिक्षण सचीव श्री प्रसाद लोलयेकर हांणी कबलातीतल्या उपक्रमांची तोखणाय करून  संशोधक आनी विद्यार्थ्यांक ताचो फायदो जातलो, अशें सांगलें.

कार्यक्रमाक पुराभिलेख संचालनालयाचे संचालक श्री रोहित कदम आनी कबलात जाल्ल्या  म्हाविद्यालयांचे प्राचार्य आनी विद्यार्थी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/743

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.